# World Environment Day

The SBSI Unit of Konkani Department celebrated **'World Environment Day'** on **5th June, 2021** in online mode using Google meet. Ms. Ramâ Murkunde, Coordinator, SBSI Unit if Konkani Department, welcomed everyone for the programme. She informed the students present regarding the concept of SBSI and the work carried out by the interns even during the 2nd wave of Covid-19 lockdown.

Ms. Soniya S. Gadkar, Mentor, SBSI Unit of Konkani Department, informed the students about the history of World Environment Day and its importance. She also suggested means of contributing in our little ways to support this year's theme 'Ecosystem Restoration'.

Students of M.A. part 1 & 2 presented their poems on the topic 'Saim' meaning nature in the Poetry recitation programme 'Saim Spandan'.

Following students participated in the event:

Adwait C. Salgaonkar, Gaurang B. Bhandiye, Pooja D. Naik, Shashank V. Naik, Manisha Pereira, Samiksha Gaude, Vishnu B. Narvekar, Anuja A. Naik and Gaurav Jalmi.

This was followed by screening of videos created by SBSI interns. Ms. Mansi Dhauskar presented a video on 'Seed Bombing' and Ms. Sneha Salgaonkar presented on 'Reuse of Plastic Bottles for planting plants.' Ms. Pranita Redkar shared her views on reduce of plastic in favour of cloth bags.

Dr. Prakash Pareinkar and Mr. Naresh Naik , faculty of Department of Konkani also expressed their views on this occasion.

Dr. Hanumant C. Chopdekar, Head of the Department, stated the importance of the oxygen which was and still is felt during the ongoing pandemic. He stated how our forefathers understood the nature, the balance required in the ecosystem, how they rooted preservation of nature in our culture. He highlighted the role of educational institutions in creating the awareness among masses regarding the preservation of nature. He congratulated the SBSI interns for their initiative on innovative ways of presenting topics through videos, Youtube channels, other activities conducted even during lockdown and for organizing the online programme. He appreciated the coordinator and mentor for encouraging and guiding the interns.

Ms. Sneha Salgaonkar, Ms. Mansi Dhauskar, Ms. Pranita Redkar, Ms. Namrata Dessai compered the pragramme.

The entire Programme concluded with Vote of thanks proposed by Mr. Amol Gauns.

Report submitted by:

Ms. Ramâ D. Murkunde
Co-ordinator SBSI
Assistant Professor,
Department of Konkani

Ms. Soniya S. Gadkar
Mentor, SBSI
Assistant Professor,
Department of Konkani

Report Approved by:

Dr. Hanumant C. Chopdekar
Head,Department of Konkani


REC

गोंय विद्यापीठ

कोंकणी विभाग अंतर्गत

एस.बी.एस.आय.

आयोजीत

# "संवसारीक पर्यावरण दीस"

ता. 5 जून 2021, सां 4.00 वरांचेर

येवकारः प्रा. रमा मुरकुंडे

प्रास्तावीक :प्रा. सोनिया गडकार

सुत्रसंचालनः स्नेहा साळगांवकर

"सैमस्पंदन" कवी संमेलन

वांटेकारः

अद्वैत चंद्रकांत साळगांवकर, गौरांग बाबुराव भांडीये, पुजा दयानंद नायक, शषांक विजयकुमार नायक, मनीशा परेरा, समिक्षा गावडे, विष्णू बाबलो नार्वेकार, अनुजा औदुंबर नायक आनी गौरव जल्मी.

स्वच्छ भारत स्टूडंट इंटर्नशीप खाला तयार केल्ले व्हिडियो प्रदर्शीत करतले.

विभाग मुखेल्यांचें उलोवपः

डॉ. हनुमंत चोपडेकार

सुत्रसंचालनः

मानसी धाऊस्कार, प्रणिता रेडकर, नम्रता देसाय

उपकाराचें उलोवपः अमोल गावस

| | | |
|---|---|---|
| प्रा. रमा मुरकुंडे | प्रा. सोनिया गडकार | डॉ. हनुमंत चोपडेकार |
| संयोजक, | मार्गदर्शक, | विभाग मुखेली, |
| एस.बी.एस.आय. | एस.बी.एस.आय. | गोंय विद्यापीठ. |

गुगल मीट लिंक : https://meet.google.com/ddx-oyhi-dfg

# विद्यार्थ्यां मेरेन पर्यावरणाचें म्हत्व पावोवप गरजेचें: डॉ. चोपडेंकार

## गोंय विद्यापिठाच्या कोंकणी विभागान संवसारीक पर्यावरण दीस मनयलो

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

**पणजी:** आयज कोवीड म्हामारीच्या काळांत प्राणवायू कितलो म्हत्वाचो हे सगल्यांक समजला. पर्यावरणा विशीं लोकजागृताय करपा खातीर शिक्षणीक संस्थांनी खासा कार्यावळींचें आयोजन करपाक जाय. विद्यार्थ्यां मेरेन पर्यावरणाचें म्हत्व पावोवप गरजेचें आसा, अशें गोंय विद्यापिठाच्या कोंक_ विभागाचे मुखेली डॉ. हनुमंत चोपडेकार हांणी सांगलें.

गोंय विद्यापिठाच्या कोंकणी विभागा खाला कार्यरत आशिल्ल्या स्वच्छ भारत स्टुडंट इंटर्न्स (एसबीएसआय) हांणी 5 जून ह्या दिसा संवसारीक पर्यावरण दिसा निमतान गुगलमीट वरवीं एक खास कार्यावळ आयोजीत केल्ली. ह्या वेळार डॉ. चोपडेकार मुखेल उलोवपी ह्या नात्यान उलयताले.

विद्यार्थ्यांनी कवी संमेलन- 'सैमस्पंदनांत' सैम असो विशय घेवन आपल्यो कविता सादर केल्यो. चिंतन, मनन करून पर्यावरण दिसाचो मूळ मंत्र मना काळजा सावन पेरपाचो यत्न केलो. आमची भारतीय मूळ लोक संस्कृतायेंत आमी सैमाक पुजतात. जो मेरेन आमी पर्यावरणाक दसून रावतले तो मेरेन आमचेर अरिश्टां येवचीं नात हो विचार आमच्या जाणट्यांनी मुखार हाडिल्लो. होच विचार आयच्या काळांत तरणाट्यां मेरेन पावोवप गरजेचो आसा, अशेंय डॉ. चोपडेकार हांणी फुडें उलयतना सांगलें.

ह्या ऑनलायन कार्यावळीच्या पयल्या भागांत 'सैमस्पंदन' कवी संमेलन जालें. कवी संमेलनांत वांटेकार जावपी विद्यार्थ्यां मदीं अद्वैत चंद्रकांत साळगांवकार, गौरांग बाबुराव भांडीये, पुजा दयानंद नायक, शशांक विजयकुमार नायक, मनीशा पैरेरा, समिक्षा गावडे, विष्णू बाबलो नार्वेकार, अनुजा औदुंबर नायक आनी गौरव जल्मी हांचो आस्पाव आशिल्लो. कार्यावळीच्या दुसऱ्या भागांत स्वच्छ भारत समर इंटर्नशीप खाला तयार केल्ले कांय व्हिडियो प्रदर्शीत केलें. डॉ. प्रकाश पर्येकार आनी प्रा. नरेश नायक हांणीय ह्या वेळार उलोवप केलें.

कार्यावळीचें संयोजन प्रा. रमा मुरकुंडे (एसबीएसआय समन्वयक) आनी प्रा. सोनिया गडकार (एसबीएसआय सल्लागार) हांच्या मार्गदर्शना खाला जालें.

सुरवातेक प्रा. रमा मुरकुंडे हांणी सगल्यांक येवकार दिलो जाल्यार प्रा. सोनिया गडकार हांणी प्रास्तावीक उलोवप केलें. पुराय कार्यावळीचें सुत्रसंचालन प्रणिता रेडकार, स्नेहा साळगांवकार, मानसी धाऊस्कार, नम्रता देसाय आनी अमोल गांवस ह्या विद्यार्थ्यांनी केलें. हे कार्यावळीक विभागाचे विद्यार्थी व्हड संख्येन हाजीर आशिल्ले.